# मास्टर इन अप्लायड आर्ट एण्ड पेन्टिंग अभ्यासक्रमाचे उक्तावण

ता. 12 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल आल्तिना वयल्या गोंय कला महाविद्यालयांत वेवसायिक कला आनी पेन्टिंग पदव्युत्तर पदवी अभ्यासक्रमाचे उक्तावण केले. पेन्टिंग विभागात पेन्टिंग एण्ड म्युरल जाल्यार अप्लायड आर्ट विभागात कम्युनिकेशन एण्ड इलस्ट्रेशन हे खाशेले विशय आसात.

शालेय वर्स 2020-2021 खातीर पेन्टिंग, म्युरल आनी कम्युनिकेशन डिजाईन विशयांत प्रत्येकी पाच जाल्यार इलस्ट्रेशन विशयात चार विद्यार्थ्यांनी प्रवेश घेतला.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान कला क्षेत्रात वेवसाय करपाक भरपूर वाव आशिल्ल्याचे सांगून कला क्षेत्रातले उच्च शिक्षण घेवपात इत्सुक आशिल्ल्या गोंयकार तरणाट्यांक आपल्या राज्यातच शिकपाक मेळटा ही तांच्या खातीर भांगराळी संद आसा, अशें म्हणले. कला महाविद्यालयांत उत्कृश्ट साधनसुविधां उपलब्ध करपाक सरकार प्रयत्नशील आशिल्ल्याचे सांगून नवीन अभ्यासक्रमांक प्रवेश घेतिल्ले विद्यार्थी आनी शिक्षकांक परबीं दिली.

मुख्यमंत्र्यान वर्गकुडीं आनी प्रयोगशाळेचेय उक्तावण केले आनी महाविद्यालयांतल्या उपलब्ध सुविधांची पळोवणी केली.

तांत्रिक शिक्षण खात्याचे संचालक श्री. विवेक कामत, पालवी संचालक श्री. विवेक बेलोकर, महाविद्यालयाच्यो प्रभारी प्राचार्य असिस्टंट प्रोफेसर श्रीमती स्मिता प्रभुदेसाय, श्री. महेश वेंगुर्लेकर, श्री. संजय हरमलकर, शिक्षक आनी विद्यार्थी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

सुरवातीक प्रो. प्रभुदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती मारिया फेर्राव हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/46